PANAJI NATIONAL 22.12.2025 6.30PM

जी राम जी

विकसित भारत रोजगार हमी आनी आजीविका अभियान ग्रामीण, म्हणजे जी राम जी विधेयक 2025क राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी मंजुरी दिली. संसदेन हे विधेयक हालींच सोंपिल्ल्या शियाळी अधिवेशना वेळार मंजूर केल्ले. हो कायदो विकसित भारत @ २०४७ च्या राष्ट्रीय दृष्टिकोना कडेन सुसंगत अशी ग्रामीण विकासाची चौकट स्थापित करपाचो प्रयत्न करता. ह्या कायद्या खाला, ज्या कुटुंबातलो प्रौढ सदस्य अकुशल शारीरिक काम करपाक तयार आसा, अशा प्रत्येक ग्रामीण कुटुंबाक प्रत्येक आर्थिक वर्सात किमान 125 दिसांच्या मजुरीअंतर्गतच्या रोजगाराची वैधानिक हमी दिल्या.

IND-NZ

भारत आणि न्यूझीलंडान आज ईतिहासिक मुक्त व्यापार कबलात वाटाघाटी यशस्वीरित्या पूराय केल्याची घोषणा केली, जी भारताच्या इंडो-पॅसिफिक प्रदेशाकडे आशिल्या संबंधांनी एक प्रमुख आर्थिक आणि धोरणात्मक पांवडो आसा. ५ औपचारिक वाटाघाटी फेरयो, खुपशे प्रत्यक्ष आणि आभासी मध्यस्थी अशी सतत आणि तीव्र चर्चा करून ही कबलात पुराय जाली. आज नवी दिल्लीत माध्यमांक माहिती देताना केंद्रीय वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हांणी म्हणले की, मुक्त व्यापार कबलात शेतकार, उद्योजक, विद्यार्थी, बायला आणि नवोनमेषकां खातीर व्यापार उभारणी वरवी विविध संधी निर्माण करतले.

न्यूझीलंडा वांगडा कबलात प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि त्यांचे सम पदस्थ लक्सन हांचेमदले संबंधांक उच्च धोरणात्मक पातळीर व्हरपाची दूरदृष्टी प्रतिबिंबित करता. त्यांनी मुखार अधोरेखित केले की भारत-न्यूझीलंड एफटीए भारताच्या १०० टक्के निर्यातीर शून्य शुल्क सुनिश्चित करतले, सगळ्या टॅरिफ रेषांतल्यान टॅरिफ काढून उडयतले, जाका लागुन शेतकार, एमएसएमई, कामगार, कारागीर, बायला फुडारपणाखालचे उद्योग आणि

तरणाट्यांक  फायदो जातलोच तर कापड, वस्त्र, चामडे आणि पादत्राणां यासारख्या कामगार-केंद्रित क्षेत्रां खातीर प्रचंड संधी उपलब्ध जातली अशे गोयल हाणी म्हळे.byte

YADAV

पर्यावरण, रान आणि हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव यांनी स्पष्ट केले की सरकार अरावली प्रदेशात शारीकरणाची कसलीच योजना आखनाआणि त्यांचे एकमेव आणि विशेष लक्ष या पर्वतरांगांचे संरक्षण करपाचेर आसा. नवी दिल्लीत एका वृत्तसंस्थेकडे उलयताना  यादव हाणी म्हणले की फुलेरा, अजमेर, उदयपूर आणि बुंदीसयत खुपशी शारां पयलीच अरावलीत आसात, जय शतकानशतका मानव रावतात. सर्वोच्च न्यायालयान अरावलींचे संरक्षित क्षेत्र परिभाषित केला.व्याख्येच्या आधारान, राज्यांक कडक नियम तयार करप आवश्यक आसा .अशे तांणी म्हणले. जवळजवळ ९० टक्के क्षेत्रात खाणकाम शक्य ना अशे ताणी म्हणले.

JAISHANKAR

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर फाल्या प्रधान मंत्रयांचे विशेष दूत म्हणून श्रीलंकेक भेट दितले. परराष्ट्र मंत्रालयान आज सांगी ल्या प्रमाण, त्यांच्या भेटी वेळार डॉ. जयशंकर श्रीलंकेच्या फुडाऱ्यांची भेट घेतले. मंत्रालयान मुखार म्हणला की, ही भेट भारताच्या शेजारी पयली धोरणार उजवाड घालतली तशेच चक्रीवादळ दितवान जाल्या विध्वंसाक फुड़ो करपाक सुरू केल्या ऑपरेशन सागर बंधूच्या संदर्भात ही भेट आसा

IMD

भारतीय हवामान विभाग (IMD)न आज पूर्व उत्तर प्रदेशात काय सुवातीनी तीव्र थंडीचे दिस आसपाची  शक्यता उक्तायल्या. बिहार, झारखंड, मध्य प्रदेश आणि पश्चिम उत्तर प्रदेशात काय सुवातीनी  आज थंडीचो दिस उरपाची शक्यता आसा. दिल्ली, हरियाणा, चंदीगड, हिमाचल प्रदेश, जम्मू आणि काश्मीर, लडाख, त्रिपुरा, ओडिशा, राजस्थान, उत्तराखंड आणि ईशान्येकडच्या राज्यांनीआज दाट धुक्याची शक्यता हवामान खात्यान दिल्या.

क्रिकेट

बायलांच्या क्रिकेटांत भारत आनी श्रीलंका हांचे मदीं जावपी पांच मॅचींच्या मालिकेची दुसरी टी-20 खेळ  फाल्यां विशाखापत्तनमांत जातलो . सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातली. हे मालिकेंत यजमानांनी 1-0 अशी आघाडी घेतल्या. कॅप्टन हरमनप्रीत कौर हाच्या फुडारपणा खाला आशिल्ल्या भारतीय पंगडान काल रातीं विशाखापत्तनमांत जाल्ल्या पयल्या टी-20 सर्तींत श्रीलंकेक आठ विकेटींनी हारयले .